राष्ट्रीय खबरो २०.१२.२०२५ @ ८.४० am

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी हैदराबादांत राज्य भौशीक सेवा आयोगांच्या अध्यक्षांच्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण केले

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज अस्तंत बंगालाक भेट दितले आणि उपरांत दोन दिसांच्या भोंवडेर आसामांत वतले

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी नवी दिल्लीत नेदरलँड्सचे त्यांचे सम पदस्थ डेव्हिड व्हॅन वील हांची भेट घेतली.

19 वर्सां सकयल्या आशिया कप क्रिकेटांत उपांत्य फेरयेंत श्रीलंकेचेर आठ गडे राखून शानदार जैत मेळोवन भारतान पाकिस्ताना वांगडा फायनलींत सुवात मेळयली तर दादल्यांच्या क्रिकेटांत टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान मालिका 3-1 अशी जिखली.

Murmu 70

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी हैदराबादांत राज्य भौशीक सेवा आयोगांच्या अध्यक्षांच्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण केले. नागरी सेवकांक भरती करतना भौशीक सेवा आयोगांनी प्रामाणीकपनान प्राधान्य दिवपाची गरज आसा हाचेर तांणी मार्गदर्शन केलें. तेलंगणाचे राज्यपाल जिष्णू देव वर्मा हांणी भरती प्रक्रिया आनी वेळा प्रमाण भरती करपाच्या सगळ्या पांवड्यार पारदर्शकतायेचेर भर दिलो. हाचे आदीं तेलंगणा भौशीक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष बी. वेंकटेशम राज्यांतल्या भौशीक सेवा आयोग अणभवांक लक्षांत घेवन सद्याच्यो आडमेळीं पयस करपा खातीर कृती आराखडो तयार करतले अशें तांणी सांगलें. Byte

मोदी 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज अस्तंत बंगालाक भेट दितले. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री नादिया जिल्ह्यांतल्या राणाघाटांत सुमार 3,200 कोटी रुपया मोलाच्या दोन राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचे बुन्याद फातर घालतले आनी उक्तावण करतले. तशेंच मोदी एके सभेत उलोवप करतले. हे प्रकल्प कोलकाता आनी सिलिगुडी मदीं म्हत्वाचो दुवो म्हूण काम करतले. हाका

लागून प्रवासांचो  वेळ सुमार दोन वरां उणो करपाक मदत जातली, जाका लागून वाहनांची येरादारी जलद आणि सुरळीत जातली.

आसाम 70

अस्तंत बंगालांतल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी दोन दिसांच्या भोंवडेर आयज दनपारां आसामांत वतले. हे भेटी वेळार ते  राज्यांत सुमार 15,600 कोटी रुपयांच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. आयज पयल्या दिसा प्रधानमंत्री गुवाहाटीच्या लोकप्रिया गोपीनाथ बोरदोलोई आंतरराष्ट्रीय विमानतळार अत्याधुनीक ‘बांबू ऑर्किडस  टर्मिनल इमारतिचे उक्तावण करतले. सुमार 1.4 लाख चौखण मिटर वाठारांत पातळिल्ल्या ह्या नव्या टर्मिनलाची रचना वर्सांक 1.3 कोटी प्रवाशांक  हाताळपाक  डिझाइन केला. ‘बांबू ऑर्किड’ हे संकल्पनेंतल्यान प्रेरीत आशील्या  ह्या टर्मिनलांत आसामाचें जैवविविधताय आनी सांस्कृतीक दायज दरशयता

Sood 60

राष्ट्रीय राजधानींत हवेचो दर्जो इबाडत आशिल्ल्यान दिल्ली सरकार धा हजार शाळेच्या वर्गांत एअर प्युरिफायर बसयतले. हवेचो दर्जो वाडोवपा खातीर सरकाराच्या सतत यत्नांतल्यान पयल्या पांवड्यार  एअर प्युरिफायर बसयतले अशें मंत्री आशीष सूद हांणी सांगलें. ह्या प्रकल्पा खातीर निविदा प्रक्रिया पयलींच सुरू जाल्या अशें तांणी सांगलें. फाटल्या सरकारान राष्ट्रीय राजधानीच्या ग्रीन बेल्टांत हवेच्या दर्ज्याचेर नियंत्रण दवरपी 30 टक्के केंद्रां स्थापन केल्यात असो दावो  सूद हांणी केला. byte sood

योगा 80

योगान संवसाराक भलायकी, समतोल आनी सुसंवादाचो मार्ग दाखयला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला . नवी दिल्लींत जाल्ले संवसारीक भलायकी संघटनेचे पारंपारीक वैजकी विषयक जागतीक परिशदेंत उलयतना मोदी हांणी सांगलें कि  फाटल्या कांय वर्सांत योग संवसारांतल्या दरेका कोनशा कोनशाक पावला हें सगळ्यांनी पळयलां.ह्या वेलार  ताणी डब्ल्यूएचओचे महा संचालक डॉ. टेड्रोस अधानोम गेब्रेयसस हांच्या वांगडा  दिल्लीतल्या जागतिक भलायकी संघटनेच्या दक्षिण-पूर्व आशिया प्रादेशिक कार्यालयाच्या नवीन इमारतीचे

उक्ताव्न केले. हे इमारतींत डब्ल्यूएचओचे  भारत देशाचे कार्यालय आसतले आनी डब्ल्यूएचओ कडेन भारताच्या भागीदारीतलो हो एक  म्हत्वाचो मार्गदर्शक पावडो थारतलो.

जयशंकर 80

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी नवी दिल्लीत नेदरलँड्सचे त्यांचे सम पदस्थ डेव्हिड व्हॅन वील हांची भेट घेतली. सोशल मीडिया पोस्टत डॉ. जयशंकर म्हणाले की त्यांनी दोन्ही देशांच्या व्यापार, संरक्षण, जहाजबांधणी, उदक, शेती,भलायकी आणि संस्कृती सयत द्विपक्षीय सहकार्यार चर्चा केली. दोन्ही वटांनी सेमीकंडक्टर्स, टॅलेंट मोबिलिटी आणि रिन्यूएबल मदल्या नवीन संधीं चेरय चर्चा केली. दोन्ही मंत्र्यांनी बहुपक्षीय सहकार्य आणि दोन्ही देशांच्या जागतिक मुद्द्यांर विचार विनिमय केलो अशे सांगुन डॉ. जयशंकर हांणी मुखार म्हणले की भारत-ईयू संबंध आणि एफटीएच्या निष्कर्षाखातीर नेदरलँड्सच्या तेक्याक महत्त्व दिता

शाह 70

फाटल्या ११ वर्षात मुखावेल्या पिळगीच्या मुळाव्या सुविधांच्या विकासात लक्षणीय प्रगती जाल्या अशे नवी दिल्लीत कॉन्फेडरेशन ऑफ रिअल इस्टेट डेव्हलपर्स असोसिएशन ऑफ इंडियाच्या राष्ट्रीय परिषद २०२५ त उलयताना गृह आणि सहकार मंत्री अमित शहा यांनी अधोरेखित केले. राष्ट्रीय मुळाव्यो सुविधा, भारतमाला, सागरमाला आणि पर्वतमाला यासयत खुपशा प्रमुख उपक्रमांनी शारी विकासाक लक्षणीयरीत्या बळकटी दिल्या  आणि भारताक जगातल्या आघाडीच्या मुळाव्या सुविधा देशांमदी सुवात दिवपाक एक स्पष्ट रोडमॅप तयार केल. त्यांनी सांगले की या प्रयत्नांचे सकारात्मक परिणाम मेळल्यात.

भारत टॅक्सी 130

भारताच्या राईड-हेलिंग क्षेत्रात निष्पक्ष, पारदर्शक आणि चालक-मालकीचो पर्याय प्रदान करपाच्या उद्देशान सरकारन भारत टॅक्सी हो सहकारी-आधारित गतिशीलता उपक्रम सुरू केला. केंद्रीय गृहमंत्री आणि सहकार मंत्री अमित शहाच्या दूरदृष्टीन मार्गदर्शन करून, हो उपक्रम चालकांक मालकी, प्रशासन आणि नफा वाटणीच्या केंद्रस्थानार दवरता. ड्रायव्हर्स आणि प्रवाशांक येवपी सततच्या आव्हानांक प्रतिसाद म्हणून, या वरसा २५ मार्च क संसदेच्या अधिवेशना वेळार भारत टॅक्सीची सुरुवात करपाची घोषणा केली. चालकांक खुपदा प्लॅटफॉर्म मालकीचो उणाव, अस्पष्ट प्रोत्साहन संरचना, चड कामाची वरां आणि सामाजिक सुरक्षेचो

उणावाचो फुड़ो करचो पडटा , तर रायडर्सांक अति सेवा, वारंवार रद्दी .करण, वाढती किंमती आणि भाड्यात मर्यादित पारदर्शकतेचो फुड़ो करचो पडटा . भारत टॅक्सी बहु-राज्य सहकारी संस्था कायदो, २००२ अंतर्गत नोंदणीकृत सहकार टॅक्सी सहकारी लिमिटेड अंतर्गत चलता. राष्ट्रीय सहकारी विकास महामंडळावरवी हाका प्रोत्साहन दितात,जाका IFFCO, NAFED, AMUL, KRIBHCO, NDDB, NCEL आणि NABARD हांचो संस्थात्मक तेको आसा

## धुके 160

धुकें आनी उण्या दृश्यमानतेक लागून जावपी विमान सेवेतल्या आडमेळी खातीर विमान कंपन्यांक प्रवाशांच्या सोयीसुविधांच्या नियमांचे काटेकोरपणान पालन करचे आणि विमानतळांर फाव तितले कर्मचारी आस्पाची खात्री करण्याचे निर्देश सरकारांन दिल्यात. जारी केल्ल्या एका अधिकृत निवेदनांत नागरी विमान मंत्रालयान धुक्याक लागून आडमेळी येवपाच्या वेळार प्रवाशांच्या सोयीसुविधांच्या आवश्यकतांचे अनिवार्य पालन करपाचेर भर दिला.प्रवाशांक तांच्या विमानांची स्थिती विशीं वेळार आनी अचूक म्हायती दिवची, तशेंच चड काळ कळाव जाल्यार जेवण आनी अल्पोपहार, विमान रद्द जाल्यार रिबुकिंग वा परतावो दिवचो अशें मंत्रालयान सांगलां. वेळार चेक इन केल्या उपरांत बोर्डिंग नाकारचें न्हय अशें मंत्रालयान सांगलां. जंय प्रतिकूल हवामान परिस्थितीक लागून फाव ते यत्न करून लेगीत विमान येरादारी करप अशक्य जाता थंय विमान कंपन्यांनी प्रवाशांक आडमेळीचें स्वरूप आनी घेतिल्ल्या उपायांची स्पश्ट म्हायती दिवची अशें मंत्रालयान सांगलां. तशेंच विमान कंपन्यांक विमानतळ हेल्पडेस्कांचेर खास करून धुक्याच्या परिणामा वेळार, खास करून सकाळीं फातोडेर आनी सांजवेळा उसरां फावो ते कर्मचारी आनी कार्यान्वित तयारी सुनिश्चीत करपाचे निर्देश दिल्यात. विमान सेवा जोडप, सामान हाताळप आनी सोबत नाशिल्ल्या अल्पवयीन भुरग्यांची जतनाय घेवपा संबंदी स्पश्ट संवाद सुनिश्चीत करचे अशें मंत्रालयान सांगला.

## गोंय 90

गोयचो मुक्ती दिस सुवाळो काल पुराय राज्य भरात मनयलो. गोयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याक राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो. हे वेळार उलयतना तांणी पोर्तुगीज राजवटीतल्यान गोंयांक मुक्त करपाखातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी हुतात्म्यांक नमन करून तांच्या उगडासाक आगरां ओपली. राज्य सरकार समाजांतलो एकवट, सलोखो आनी शांतीकायेचे राज्य म्हूण गोंयची वळख सांबाळून दवरपाक वचनबद्द आसा तशेंच साधनसुविधांचो विकास करतना गोंयचो सैम, सोबीतकाय आनी संस्कृतीचो

सांबाळ करपाक सरकार प्राधान्य दिता. गोंयचे लोक सरबराये खातीर फामाद आसून गोंयांत येवपी पर्यटकांक अतिथी देवो भव च्या भावनेन येवकारतात, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. Byte

स्पोर्ट्स 110

19 वर्सां सकयल्या आशिया कप क्रिकेटांत काल सांजवेळा दुबयंत जाल्ले उपांत्य फेरयेंत श्रीलंकेचेर आठ गडे राखून शानदार जैत मेळोवन भारतान पाकिस्ताना वांगडा फायनलींत सुवात मेळयली.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं अहमदाबादांत जाल्ल्या पांचव्या आनी निमाण्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान दक्षिण आफ्रिकेक 30 धांवड्यांनी हारयले आनी ही मालिका 3-1 अशी जिखली.

वेदर 50

आज उत्तर प्रदेश, दिल्ली, छत्तीसगड आनी हिमाचल प्रदेशांत दाट ते सामके दाट धुकें पडपा खातीर भारत हवामान खात्यान ‘ऑरेंज’ अलर्ट जारी केला.